NATIONAL NEWS ON 01.03.2025 @ 6.30 PM

जहान-ए-खुसरो135

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लीत सुंदर नर्सरींच्या जहा-ए-खुसरो 2025 त वांटो घेतलो. ताणी जहा-ए-खुसरोची तोखणाय केली आनी देशाच्या संस्कृताय आनी कले खातीर अशे तरेचे कार्यक्रम म्हत्वाचे आसात आनी ह्या कार्यावळीन लोकांच्या काळजांत सुवात निर्माण केल्या, हें ताचें सगळयांत व्हडलें यश अशें म्हणले. सुफी परंपरेन देशांत एक आगळीच सुवात निर्माण केल्या आनी तो एक सामायिक.दायज अशें तांणी सांगलें. ह्या भव्य सूफी संगीत महोत्सवाक अंदूं 25 वर्सां जालीं. फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखे मेरेन हो महोत्सव चलतलो. अमीर खुसरो हाच्या दायजाचो उगडास करपा खातीर ह्या महोत्सवांत संवसारभरांतल्या कलाकारांक एकठांय हाडल्यात. अंदूं रूमी फावंडेशनान आयोजीत, नामनेचे चित्रपट निर्माते आनी कलाकार मुजफ्फर अली हाणी 2001 वर्सा सुरू केल्या ह्या महोत्सवाक 25 वर्सां पुराय जाल्यांत. महोत्सवा वेळार प्रधानमंत्र्यान टी ई एच बाजाराक भेट दिली, जंय देशभरांतल्यान वन डिस्ट्रिक्ट-वन प्रोडक्ट अंतर्गत उत्कृष्ट कलाकृती, हस्तकला आणि हातमाग हस्तकलेचयो वस्ती आदी प्रदर्शित केल्यात

पासपोर्ट 100

केंद्रान पासपोर्ट नेमांत दुरुस्ती करून 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ल्या पासपोर्ट अर्जदारांक फावो त्या अधिकाऱ्यांनी जारी केल्लो जल्म प्रमाणपत्र होच जल्म तारखेचो एकमेव पुरावो थारायला पासपोर्ट नेम, 1980 तल्या दुरुस्त्यो चालीक लावपा खातीर हे संबंदी अधिकृत अधिसुचोवणी जारी केल्या. नव्या नेमा प्रमाण पासपोर्ट (दुरुस्ती) नेम, 2025, जल्म आनी मरण नोंदणी कायदो, 1969 खाला अधिकृत केल्ल्या हेर खंयच्याय प्राधिकरणान जारी केल्लीं जल्म प्रमाणपत्रां 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ल्या व्यक्तीं खातीर जल्म तारखेचो पुरावो म्हणून मान्य करतले. हेर अर्जदारांक जल्म तारखेचो पुरावो म्हूण वाहन चालक परवानो, पॅन कार्ड, वेंचणुकेचें फोटो वळखपत्र वा शाळा सोडपाचें प्रमाणपत्र अशे पर्यायी कागदपत्र सादर करूं येतात.

नड्डा 180

केंद्रीय भलायकी, कुटुंब कल्याण, रसायन आनी सारें मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांचे वांगडा भलायकी, कुटुंब कल्याण, रसायन आनी सारें राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी आयज प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजनेच्या रथ आनी हेर धा वाहनांक पाचवो बावटो दाखयलो. जन औषधी जन चेतना सप्तक आयज सावन 7 मार्च मेरेन आयोजीत केला. ह्या म्हयन्याचे 7 तारखेक जनौषधी दीस मनयतात.

ह्या वेळार उलयतना नड्डा हांणी प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजनाक भौशीक चळवळ ही जन आंदोलन करची अशें सगळयांक आवाहन केलें. हे विशीं आपल्या नात्यांतल्या आनी इश्टां कडेन उलोवपाक नड्डा हाणी उलो मारला, जाका लागून तांकांय ताचो फायदो मेळटलो. लोकांक वखदां उण्या दरांत दिवप ही सरकाराची जापसालदारकी आसा आनी सरकारान आपली जापसालदारकी पुराय केल्या अशें तांणी सांगलें. वखदां निर्माण विभागामार्फत जन औषधी जन चेतना सप्ताह आयोजित केला, जाचे खाला जायत्या कार्यावळीं वरवीं लोकांक जागृताय निर्माण जातली अशें पटेल हांणी सांगलें., 2014 वर्सा पयलीं फकत 80 जनौषधी केंद्रां आशिल्लीं, आतां देशांतल्या वेगवेगळया वाठारांनी 15 हजारां परस चड आसात. जनऔषधी केंद्रांनी मेळपी परवडपी वखदां विशीं चड लोकांक जाणून घेवचें आनी तांचो फायदो घेवचो अशें तिणें सांगलें सांगलें. दर्जेदार भलायकी सेवा हें सरकाराचें प्राधान्य आसा आनी ते दिशेन जनौषधी हें म्हत्वाचें पावल अशें तिणें म्हणले

मोदी 100

शेतकी क्षेत्राक चड लवचीक आनी समृध्द करप होच ह्या वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पाचो हेत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. शेतकी आनी गांवगिऱ्या या विषयार अर्थसंकल्पोत्तर वेबिनारात उलोवप करतना मोदी हांणी सांगलें,की विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन वचपाचो भारताचो संकल्प सामको स्पश्ट आसा. शेतकार समृध्द आनी सशक्त असो भारत तयार करपा खातीर आमी एकठांय येवन वावुरतात अशें तांणी सांगलें. शेतवडीक उदरगतीचें पयलें इंजिन मानून सरकारान शेतकारांक अभिमानाची सुवात दिल्या. शेतकी

क्षेत्राची उदरगत आनी गांवांची समृध्दी अशा दोन मुखेल ध्येयां कडेन आमी एकठांय वचत आसात. केंद्रीय अर्थसंकल्पांत सरकारान 'प्रधानमंत्री धन धन कृशी येवजण' जाहीर केल्या, जाचे खाला देशांतल्या सगळयांत उण्या शेतकी उत्पादकता आशिल्ल्या 100 जिल्ह्यांच्या उदरगतीचेर लक्ष केंद्रीत करतले.अशें मोदी हांणी सांगलें.

शाहा 130

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी मणिपूरांतल्या सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी 8 मार्चा सावन राज्यांतल्या सगळया मार्गांचेर लोकांची मुक्त येरादारी सुनिश्चीत करपाचो निर्देश दिलो. मणिपूरचे राज्यपाल अजय कुमार भल्ला हांच्या हाजिरेंत नवी दिल्लीचे सुरक्षा परिस्थितीचेर उच्च पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपदार उलयतना शाह हाणी रस्त्यांचेर आडमेळीं निर्माण करपी लोकां आड खर कारवाय करपाचे निर्देश दिले. मणिपूरच्या आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर नियुक्त प्रवेश बिंदूंच्या दोनूय वटांनी वय घालपाचे काम बेगीनांत बेगीन पुराय करपाचो निर्देश ताणी दिले. मणिपूर ड्रग्स मुक्त करपा खातीर ड्रग्स वेपारांत आस्पाव आशिल्लें पुराय जाळें उध्वस्त करपाक जाय अशें तांणी सांगलें. बसके वेळार मणिपूरांत कायमस्वरूपी शांतताय स्थापन करपा खातीर नरेंद्र मोदी सरकार पुरायपणान वचनबद्ध आसा आनी हे बाबतींत गरजेची सगळी मजत दिता अशें शाहा हाणी सांगलें. हे बसके वेळार गृह सचीव गोविंद मोहन, गुप्तचर ब्युरोचे संचालक तपन कुमार डेका आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.